प्रादेशिक खबरो

१५.०३.२०२५ @ ७.२०

गोंय पुलीस, राष्ट्रीय रक्षा विद्यापिठाच्या सहकार्यान एके समजीकायेच्या कबलातीचेर हालीच सयो केल्यात

मीडिया आणि मनरीजवण (M&E) क्षेत्रात जागतिक सहकार्य वाढोवपाच्या एका व्हड उपक्रमात, सरकारान WAVES 2025 चेर एक उच्चस्तरीय सत्र आयोजित केले.

लोकशायेंत लोक सर्वोच्च आनी भारत लोकशायेची आवय अशें राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी म्हनला

प्रजासत्ताक दिसा, निमित्त जाहीर जावपी पद्म पुरस्कार-२०२६ खातीर नामांकना/शिफारशी १५ मार्च २०२५ पासून सुरू जातली.

--------------

गोंय पुलीस, राष्ट्रीय रक्षा विद्यापिठाच्या सहकार्यान प्रशिक्षण, शिक्षण, आनी संशोधनावरवी पुलीस दळाची तांक वाडोवपा खातीर संयुक्तपणान वावुरपा संदर्भातल्या एके समजीकायेच्या कबलातीचेर हालीच सयो केल्यात. संलग्नताय आनी प्रमाणीकरण, शिक्षणीक आनी संशोधन कार्यावळी, प्रशिक्षण आदार, ऑनलायन आनी ऑफलायन कार्यावळी, अशा साबार वाठारांनी सहकार संशोधन आनी हेर गजालींचो ह्या कबलातींत आस्पाव आसा .

अप-स्किलिंग आनी प्रशिक्षण कार्यावळी आयोजीत आनी सुरक्षा मळार नवनिर्माणांक प्रोत्साहन दिवपाच्या हेतान राष्ट्रीय रक्षा युनिव्हर्सिटीच्या तज्ञतेचो समन्वय सादप हो ह्या एमओयूचो मुखेल हेत आसा.

मीडिया आणि मनरीजवण (M&E) क्षेत्रात जागतिक सहकार्य वाढोवपाच्या एका व्हड उपक्रमात, सरकारान WAVES 2025 चेर एक उच्चस्तरीय सत्र आयोजित केले. माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयान आयोजित केल्या या कार्यक्रमाचो उद्देश १ ते ४ मे २०२५ मजगती मुंबयत जावपी जागतिक ऑडिओ व्हिज्युअल आणि मनरीजवण शिखर परिषद (WAVES) २०२५ च्या पयली आंतरराष्ट्रीय समुदायाक सहभागी करून घेवप आसा.

संवसारीक ऑडियो व्हिज्युअल आनी मनरिजवण शिखर परिशद (WAVES) हैं एक आगळें केंद्र आनी बोलकी माची आसा जें पयले आवृत्तींत पुराय मिडिया आनी मनरिजवण (M&E) क्षेत्राच्या अभिसरणा खातीर तयार केलां. ही कार्यावळ एक व्हड जागतीक कार्यावळ आसा जाचो हेतू जागतीक M&E उद्देग भारतांत हाडप आनी ताका ताच्या प्रतिभे वांगडाच भारतीय M&E क्षेत्रा कडेन जोडपाचो आसा.

सांता क्रुझचे आमदार रुडोल्फ फर्नांडिस हाणी सांता क्रुझ मतदारसंघातल्या काक्रा या नुस्तेमार गावाक सरपंच जेनीफर ओलीवेरा हांचे वांगडा हालीच भेट दिली.काक्रा हो गावाचो भाग प्रधानमंत्री योजनेअंतर्गत विकासा खातीर हातांत घेतला. या वेळार उलयताना रुडोल्फ फर्नांडिस हांणी म्हणले की,प्रधानमंत्री योजनेअंतर्गत हो विकास करतले, जागा लागून नुस्तेमार मुदायाक त्यांची घरा वाटावपाक मदत जातली तशेच बर्यो मुळाव्यो सुविधा उपलब्ध जातल्यौ.  गावाच्या विकासा खातीर २ कोटी रुपया मंजूर केल्यात आणि लोकांच्या मागणी प्रमाण ते करतले अशे ते उलयले

लोकशायेंत लोक सर्वोच्च आनी भारत लोकशायेची आवय अशें राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी म्हनला. त्या खातीर नागरिकांचो सांबाळ बरे भशेन करप हे प्रत्येक शासनकर्त्याचे कर्तव्य जावन आसा असे मत तांणी मांडले. आयज तांणी मडगावच्या गुजराती समाज एज्युकेशनल ट्रस्ट स्पेशल एबिलिटी स्कूलाक भेट दिली. तांणी ह्या शिक्षणीक विश्वस्तांच्या उपक्रमाक येवकार दिलो तांचे उपकारय मानले. आनी हे संस्थेक आर्थिक मजतय केली.ह्या वेळार माचयेर मडगावचे आमदार दिगंबर कामत, गुजराती

समाज एज्युकेशनल ट्रस्टाचे अध्यक्ष मुकेश सगलानी, राज्यपालांचे सचीव मिहिर वर्धन, एम. एम. राव, समाज कल्याण खात्याचे संचालक अजित पंचवाडकर आनी वर्षा नायक हे हाजीर आशिल्ले.ह्या वेळार राज्यपालानी संस्थेच्या अध्यक्षाकडेन अर्थीक मजतीचो धनादेश दिलो. त्याशिवाय असाध्य दुयेंसां कडेन झुजपी आनीक चार जाणांकय ह्या संदर्भात तांणी आर्थिक मजत भेटयली.आमदार दिगंबर कामत हांणी राज्यपाल पिल्लईची तोखणाय करतना असो राज्यपाल गोंयांत पयली केन्नाच मेळ्ळो ना अशें सांगलें. गुजराती समाज एज्युकेशनल ट्रस्टाक आपूण सदांच आदार दितलों अशेंय तांणी सांगलें. मुकेश सगलानी हांणी ह्या मेळाव्याक येवकार दिलो.

प्रजासत्ताक दिसा, निमित्त जाहीर जावपी पद्म पुरस्कार-२०२६ खातीर नामांकना/शिफारशी १५ मार्च २०२५ पासून सुरू जातली. पद्म पुरस्कारां खातीर नामांकना/शिफारशी फक्त पोर्टलार ऑनलाइन मेळतली. पद्म पुरस्कार, पद्म विभूषण, पद्म भूषण आणि पद्मश्री, हे देशातल्या सर्वोच्च नागरी पुरस्कारांपैकी एक आसात. १९५४ त स्थापन जाल्ले हे पुरस्कार दरवर्सा प्रजासत्ताक दिसानिमित्त जाहीर करतात. हो पुरस्कार 'विशिष्ट कार्य' वळखुपाचो प्रयत्न करता आणि कला, साहित्य आणि शिक्षण, खेळ, वैचकी, सामाजिक कार्य, विज्ञान आणि अभियांत्रिकी, सार्वजनिक व्यवहार, नागरी सेवा, व्यापार आणि उद्योग अशा सगळ्या क्षेत्रांत/विषयांत विशिष्ट आणि अपवादात्मक कामगिरी/सेवेखातीर दितात

समाज कल्याण मंत्री सुभाष फळ देसाई हांच्या यशस्वी उलोवनि केले उपरांत निमाणे सांगेत छत्रपती शिवाजी महाराजाचो पुतळा  स्थापन करपाची वाट मेकळी जाल्या. पालिका बाल उद्यानांत छत्रपती शिवाजी महाराजाचो पुतळा स्थापन केल्ल्यान विरोधी नगरसेवक आनी कांय समविचारी घटकां मदि वाद निर्माण जाल्लो. पूण मिरॅकल चर्चचे धर्मगुरू रोमिओ डिसिल्वा यांनी मंत्री सुभाष फळदेसाई यांच्या बरोबर मेळून छत्रपतींच्या पुतळया खातिर नेहरू उद्यानाच्या जागेची निवड करत धार्मिक वाद भडकणचा दावो करप्याक तोंडर उद्यले. छत्रपती शिवरायांचा पुतळा बसवण्याच्या कामाक सुरुवात करपाचो निर्णय एकमतान घेतलो  छत्रपतीच्या पुतळ खातीर सांगे नगरपालिकेन खाशेलो थाराव माडिल्लो. हे खातीर नगरपालिका बाल उद्यानाची निवड जाली. पूण आपूण शिवाजी महाराजाचो कट्टर भक्त अशें सांगपी विरोधी नगरसेवकान इगर्जे मुखार छत्रपतीचो पुतळा उबो केल्यार धर्मीक वाद निर्माण जातलो अशी शिटकावणी दिवन समविचारी घटकांक उलो मारलो. ह्या वादाक धर्मीक रंग दिवपाचे यत्न जाले म्हणून थळावो आमदार आनी समाज कल्याण मंत्री सुभाष फल देसाय हांकां हो प्रस्न सोडोवचो पडलो. ताच्या यशस्वी उलोवणी केले उपरांत अवर लेडी ऑफ मिराकल्स इगर्जेचो पाद्री रोमियो डिसिल्वा हांणी मंत्री सुभाष फळ देसाई इगर्ज

समिती आनी छत्रपती शिवाजी महाराज पुतळया स्थापन समिती वांगडा नेहरू पार्काच्या जाग्याची तपासणी केली आनी प्रवेशदाराच्या कुशीक आशिल्ल्या उक्त्या जाग्यार छत्रपतीचो पुतळ उबारपाच्या प्रस्तावाक मान्यताय दिली. चर्चच्या कार्यक्रमात हिंदू बांधव उपस्थित रावतले आनि छत्रपतींच्या उत्सवात ख्रिस्ती बांधव सहभागी जातले जेणेकरून फुदारात सुद्धा जातीय तेढ निर्माण जावचो ना असो विश्वास फळ देसाई यांनी व्यक्त केला.
दोनूय वटांनी गैरसमज जावचो न्हय म्हणून इगर्ज आनी छत्रपती शिवाजी महाराज हांचे वर्सुकी उत्सव एकाच वेळार जावचे न्हय अशें आवाहन फळ देसाई हांणी पालिका म्हामंडळ छत्रपती शिवाजी महाराज पुतळ स्थापन समिती कडेन आनी इगर्ज समिती कडेन केलां.तेन्ना फादर डेसिल्वा हांणी सांगलें की, जातीय सलोखो ही देशाच्या उदरगतीची बुन्याद आनी धर्माच्या नांवान फूट निर्माण करपी लोक मनीसपणाच्या आड आसा अशे मानतले. समाजांतले सगळे वर्ग एकवटीत उरचे अशें सगळयांक आवाहन करून फादर डिसिल्वा हांणी मंत्री फळ देसाई हांणी हो प्रस्न सामंजस्यान सोडयल्याबद्दल मंत्री फळदेसाई यांचे आभार व्यक्त केले.

फोंडा तालुक्यात अंत्रुज शिगमोत्सवाचें उक्तावण मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी आज केलें. ह्या वेळार पर्यटन मंत्री रोहन ख्वाटे, कृशी मंत्री रवी नायक, राज्यसभा खासदार सदानंद शेठ तनावाडे, गोंय भाजपाचे प्रदेश अध्यक्ष दामू नायक, फोंडा नगरपालिका नगराध्यक्ष आनंद नायक आनी फोंडा शिगमोत्सव समितीचे पदाधिकारी हाजीर आशिल्ले. पारंपारीक ध्वजाक माळ घालून आनी नाल्ल उबारून शिगमोत्सवाचें उक्तावण जालें. ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी सांगलें की, गोंयांत शिगामो उत्सवाची व्हड परंपरा आसा आनी आमची संस्कृताय तिगोवन दवरपा खातीर सगल्यांनी वावुरचें. ही संस्कृताय आयचे तरणाटे पिळगेक दाखोवप गरजेचे असे तानी सांगळे आणि. होच शिगमो उत्सव सरकारी पांवड्यार मनवपाचो मुखेल हेतू आसा आनी हें दायज फुडले पिळगेक दिवपा खातीर अशे तरेचे कार्यक्रम गरजेचे अशें तांणी सांगलें. शिगमोत्सवा, कार्निवाल सारके उत्सव हे लोकाक खोस हाडपी आनी लोक कलाकार आनी तरणाट्या कलाकारांक एक मंच दिवपी उत्सव अशेंय तांणी सांगलें. ह्या वेळार उलयतना मंत्री रवी नायक हांणी सांगलें की, फोंडा तालुक्यांत म्हळयार अंतरूज भुंयेंत 1980 वर्सा सरकारी शिगमोत्सव सुरू जालो. आयज मेरेन हो उत्सव अखंडपणान चलता अशें तांणी सांगलें आनी सगळयांनी तातूंत उमेदीन वांटो घेवचो अशें तांणी सांगलें. ह्या संदर्भार मंत्री रोहन ख्वाटे, खासदार सदानंद

शेठ तनावाडे आनी हेर मानेस्तांनी भाशण केली. उक्तावण सुवाळ्या उपरांत शिगमो महोत्सवाची मिरवणूक आनी पारंपारीक रोमथा मेळ सर्त सुरू जाली.

आकाशवाणी पणजी तातपुरत्या कराराचेर कोंकणी निवेदक पदाखतीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयता. शिक्षणीक पात्रताय :: पदवी मेरेनचें शिक्षण. पिराय :: FM Rainbow खातीर 21 ते 40 वर्सां कोंकणी वांगडा मराठी भाशेचें गिन्यान गरजेचें. अर्जा वांगडा शिक्षणीक दाखले तशेंच आधार कार्ड पॅन कार्ड आणी फोटो जोडचो. कामाच्या दिसांनी 11 ते 1 वरां मजगती पुराय भरिल्ले अर्ज आनि परीक्षे खातीरची फी घेवन आकाशवाणी पणजी आल्तीन पणजे हांगा दिवचे. अर्ज धाडपाची निमणी तारीक:: 17 मार्च 2025 आसा.

अपूर्व प्रकाशनाn आयतारा 16 मार्चाक, कला आनी संस्कृती भवन, पाटो पणजी हांगा केंद्रीय साहित्य अकादेमी पुरस्कार जैतीवंत कवी आनी लेखक सर्गेस्त संजीव वैरेंकार हांच्या दुसऱ्या पुण्यतिथी निमतान 'फाटल्यान वळून पळयतना....' ह्या तांच्या आत्मकथेच्या पुस्तकाचो विमोचन सुवाळो दवरलां. ही कार्यावळ सांजें 04:30 वरांचेर जातली ह्या सुवाळ्याक मुखेल सोयरे म्हूण आदली वीज मंत्री निर्मला सावंत, कार्यावळीचे अध्यक्ष म्हूण साहित्यीक, अंदूचे साहित्य अकादेमी पुरस्कार विजेते मुकेश थळी हाजीर रावतले.

ह्या कार्यावळींत सर्गेस्त संजीव वेरेंकार यादस्तीक दुसरे अखिल भारतीय कोंकणी कविता लेखन सर्तीतल्या जैतीवंताक इनामां भेटयतले. ह्या पुस्तक प्रकाशन आनी इनामां वांटप सुवाळ्याक सगल्यांनी इश्ट मित्रां सयत येवचें, अशें अपूर्व प्रकाशनाचे जाळवणदार स्नेहा वेरेंकार मुरकुटे, समिधा वैरेंकार हांणी मागलां.

तापमान

उदेंतेवटेनच्या वाऱ्याचो प्रभाव मंद जाल्ल्यान राज्यांत खूब उश्णताय वाढल्या. लोक उश्णतायेक लागून बेजार जाल्यात आनी गर्मेन आंग भाजता. पणजीत नोंद जाल्ले तापमान कमाल 34.2 किमान 26 डिग्री सेलसीयस हवेतली आर्द्रता 89 %  हवामान सुके आसतले आनी तापमान 34 ते 36 डिगरी सेलसीयस आसू येता  आणि सकाळी काय प्रमाणात धुके पातळू येता असो अदमास वेधशाळेन उक्तायला. कालच्या तुळेंत आयज चडांत चड तापमान मात्शें उणें जालां तरी सकाळपासून अ सलेले दमट वातावरणाक लागून आनी वाडिल्ल्या

आर्द्रतेक लागून व्हड प्रमाणांत नागरिक बेजार जाल्यात. एके वटेन शिमगो महोत्सवाची उमेद आनी दुसरे वटेन खर उश्णताय हाका लागुन नागरिक बेजारिल्ले.